गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय
सरकारी पत्रक

# पर्यटन उद्देगाच्या वाडिखातीर सरकार आवश्यक साधनसुविधां दितले- मुख्यमंत्री

ता. 13 सप्टेंबर 2019

गोंयांत पर्यटन उद्देगाच्या वाडिखातीर आवश्यक आशिल्ल्यों सगळ्यों साधनसुविधां उपलब्ध करपा खातीर सरकारचे प्रयत्न आसतले, अशें उतर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात भारत सरकारच्या पर्यटन मंत्रालयाच्या स्वदेश दर्शन येवजणेखाला राज्यांत पूर्ण जाल्ल्या प्रकल्पांचे उकतावण आनी नवीन प्रकल्पांची पायाभरणी केल्या उपरांत उलयतना दिले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी केंद्रीय पर्यटन आनी संस्कृती राज्यमंत्री- (स्वतंत्र प्रभार)श्री. प्रल्हाद सिंग पटेल हांचे हस्तूकीं अंजुणा आनी कांदोळी दर्यावेळे वयल्यां पार्किंग आनी भौशीक साधनसुविधां आनी मोरजी खींड हांगाच्या पर्यटन स्थळ आनी सुविधांचे उकतावण आनी पाटो-पणजी हांगाच्या नियोजीत मिनी कन्व्हेंशन सेंटर आनी आग्वाद बंदखणीची पर्यटन स्थळ म्हुण उदरगत करपाच्या कामाची पायाभरणी जाली. तशेंच गोंय पर्यटन मोबायल अप्लिकेशन सुविधेचो शुभारंभ जालो.

उपमुख्यमंत्री आनी पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, ग्रामीण उदरगत मंत्री श्री. मायकल लोबो, गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. दयानंद सोपटे, आमदार विनोद पालयेकर, पर्यटन सचीव जे. अशोक कुमार, पर्यटन संचालक संजीव गडकर, गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक निखील देसाय आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

राज्यांत पर्यटन उद्देगाच्या वाडिखातीर संबंदीत वेवसायिकांनीय सहकार्य करपाची गरज आसा. गोंकारांनीय मोठ्या संख्येन पर्यटन वेवसायात भितर सरपाक जाय. राज्यांत पर्यटन वेवसाय क्षेत्रात गुंतवणूक करतल्यांक आवश्यक सुविधां दिवपाक सरकाराचे प्राधान्य आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें. केंद्रीय पर्यटन आनी संस्कृती राज्यमंत्री- (स्वतंत्र प्रभार)श्री. प्रल्हाद सिंग पटेल हांणी ह्या वेळार उलयतना स्वदेश दर्शन येवजणेखाला गोंय राज्यांत वेगवेगळ्यां प्रकल्पांची कामां पूर्ण केल्ले खातीर राज्य सरकारचे अभिनंदन करून गोंयान पर्यटन साधनसुविधां निर्माण करपा खातीर स्वदेश दर्शन येवजणेच्या निधीचो योग्य वापर केल्ल्याचे म्हटले आनी नियोजीत प्रकल्पां खातीरय सगळे तरेचे सहकार्य दिवपाचे उतर दिले. पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी स्वदेश दर्शन येवजणेच्या माध्यमातल्यान गोंयात पर्यटन सुविधांनी वाड जावपाक मजत जाल्ल्याचे सांगले.

ग्रामीण उदरगत मंत्री श्री. मायकल लोबो हांणी स्वदेश दर्शन येवजणेक लागून गोंयच्या दर्यावेळांचेर गरजेच्यों सुविधां उपलब्ध जावपाक मजत जाल्ल्याचे सांगले. गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. दयानंद सोपटे हांणी स्वदेश दर्शन येवजणेखालच्या प्रकल्पांची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/576

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA